# संवसारीक पर्यावरण दिसा निमतान राज्यपालांनी पर्यावरणाच्या म्हत्वाचेर दिलो भर

पणजी, 4 जून 2020

संवसारीक पर्यावरण दिसा निमतान राज्यपालानी गोंयकारांक दिल्ल्या आपल्या संदेशांत पर्यावरणाच्या म्हत्वाचेर भर दिलो.

पर्यावरणीय कृती खातीर संवसारीक पर्यावरण दीस हो सगळ्यांत विशेश दीस आसा अशें राज्यपालानी आपल्या संदेशांत म्हणला.

1974 वर्सा सावन, दर वर्सा 5 जुनाक हो दीस मनयतात आनी सुमार 100 देशांनी वेगवेगळ्यो कार्यावळी जातात, जातूंत सरकार, उद्देग, नामनेचे व्यक्ती आनी नागरीक म्हत्वाच्या पर्यावरणीय मुद्द्यां संदर्भांतल्या वेगवेगळ्या यत्नांचेर भर दितात. लोकांनी पर्यावरणाचें म्हणल्यार धर्तरेचें उपकार मानपाचो हो दीस जांणी आमकां फावो तशी आनी निरोगी वसणूक दिल्या.

सगळ्यांत पयलीं, संवसारीक पर्यावरण दीस, प्रेरणादायक सकारात्मक बदल घडोवंक संवसारीक माची दिता अशें राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांणी मुखार सांगलें. संवसारीक बदलाक संवसारीक समुदायाची गरज आसा हाची जाणविकाय आसूंक जाय. हो दीस पर्यावरणाचो वापर कसो करचो हे विशीं लोकांक चिंतूंक लायता, उद्देगांक पाचवेचार मॉडल तयार करूंक लायता, शेतकारांक आनी उत्पादकांक शाश्वत पद्दतीन उत्पादन करपाक लायता, सरकारांक रानजीव वाठार सुरक्षीत दवरूंक लायता, शिक्षकांक धर्तरेचेर एकठांय रावपाक विद्यार्थ्यांक प्रेरीत करूंक लायता, आनी तरणाट्यांक हरीत फुडाराचें खडेगांठ राखणदार जावंक आदार करता.

निरोगी जिवना खातीर पर्यावरणाची भोव म्हत्वाची भुमिका आसा अशें राज्यपालानी म्हणलें. पर्यावरण आमकां हवा, अन्न आनी हेर गजाली दितां अशें तांणी सांगलें. 'जनावरां आनी मनश्यां मदलो फरक म्हणल्यार जनावरां पर्यावरणा खातीर बदलतात पूण मनीस पर्यावरणाक स्वता खातीर बदलता' हे सारकें म्हणलां. पर्यावरण आमच्या शेजार्या वरीच आसा, ताच्या सरभोंवतणचो परिसर आमचेर परिणाम करता तशेंच वाड आनी विकास सुदारता. आयच्या जगांत, झाडां मारप, वाडटें वैश्वीक तापमान, अन्नाची नासाडी, प्रदुशण ह्या सारकिल्या पर्यावरणीय मुद्द्यांचेर उपाय काडप गरजेचें जाला.

सद्या पुराय जगाचेर कोवीड-19 महामारीचो परिणाम जाला. महामारीच्या फाटभुंयेर जाल्ल्या लॉकडावना वेळार पुराय संवसारभरांत कार्बन डायऑक्सायडाचें उत्सर्जन उणें जालां. मळब आनीक नितळ जालां, उदक उणें प्रदुशीत जालां आनी सगळ्या मानवी प्राण्यांच्या सह-अस्तित्वाक उर्बा मेळ्ळ्या. आमी मनश्यांनी सैमाचें उपकार मानपाक जाय तशेंच पर्यावरण आनी उदरगती मदीं फावो तसो समतोल

दवरपाचो यत्न करपाक जाय, हे हातूंतल्यान दिसून येता. आमी शाश्वत उदरगतीचेर भर दिवपाक जाय अशें राज्यपालानी मुखार म्हणलें.

भारताच्या पश्चीम दर्यादेग वाठारांत आयिल्ल्या निसर्ग वादळाक लागून गोंया सयत हेर तटीय राज्यांनी खूब लुकसाण जालां. ह्या राज्यांनी नेटाचें वारें मारिल्ल्यान आनी उटंगाराचो पावस पडिल्ल्यान झाडां पडल्यांत आनी घरांचें लुकसाण जालां अशें राज्यपाल श्री. सत्य पाल मलीक हांणी सांगलें.

जेन्ना सैम आक्रमक जाता तेन्ना जिविताक लिपपाक खंयच सुवात आसना. सैमाचो प्रकोप अटळ आसा. ते खातीर आमी सगळ्यांनी सैमाचो आनी आमच्या पर्यावरणाचो आदर करपाक जाय आनी आमची जीण ताच्या वांगडा मेळून एकठांय जगपाचो यत्न करपाक जाय.

गोंयाक सैमीक सोबीतकाय आनी पाचव्याचार वनस्पतीचें वरदान मेळ्ळां अशें राज्यपालानी म्हणलें. तें राखून दवरप आनी ताची शुद्धताय दवरपाची जापसालदारकी आमची आसा. मनशान तयार केल्ल्या संकश्टा पसून आमच्या पर्यावरणाक कशे वाटावंक शकतात हाचेर नागरीक ह्या नात्यान आमी आमच्या भुरग्यां कडेन, घरच्यां कडेन, सह-कर्मचार्यां कडेन उलोवन जागृताय घडोवपाक जाय. स्वताक तशेंच तुमच्या भुरग्यांक आनी घरच्यांक रोंपां लावपाक उर्बा दियात. ल्हान कुळागर वा पोरसूं तयार करात आनी सांबाळात. फळां, भाजयो रोंयात. वेगवेगळीं बियाणीं, झाडां आनी सार्या विशीं शिकात. शारी वाठारांनी लोकांक जाग्यांची आडमेळी येवं येता, पूण तरी आसतना ते आपल्या बालकनींत, घराच्या पाख्या वयर, जनेलाच्या हारश्यां कडेन ल्हान ल्हान रोंपां लावपाक शकतात वा कुंडेंत झाडां रोंवपाक शकतात. वाहनांचो वापर उणो करात जाका लागून प्रदुशण उणें जातलें. शक्य आसता तेन्ना चलत वा सायकलीचेर वचात. “Refuse, Reduce, Reuse, Restore, Recycle (न्हयकारात, उणे करात, परत वापरता, पुनर्स्थापन करात, पुनर्चक्रण करात)”. ह्या संकल्पनां विशीं समजून घेवपा खातीर ह्या संवसारीक पर्यावरण दिसा वेळ काडात. जर तुमी हे पांच R (आर) मतींत दवरल्यार तुमी व्यक्तिगत जिणेंत खूब गजाली साध्य करपाक शकतले अशें राज्यपालानी सांगलें.

DI/NB/JA/SAG/2020/57

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA